**<u>4 ते 6 ऑक्टोबराक 20 वो राज्य युवा महोत्सव</u>**

ता. 25 सप्टेंबर 2023

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन ता. 4, 5 आनी 6 ऑक्टोबर 2023 दिसा रविंद्र भवन, मडगांव हांगा 20 व्या युवा महोत्सवाचे थेट राज्य पांवड्याचेर आयोजन करपात येतले. ह्या वर्सा उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हा पांवड्याचेर युवा महोत्सव जावचो ना. जांणी जिल्हा पांवड्याचेर युवा महोत्सवात सहभागी जावपाखातीर आपल्यो प्रवेशीका सादर केल्यात तांणी हांची नोंद घेवची. सगळ्यों सर्ती थेट 20 व्या राज्य युवा महोत्सवात जातल्यो.

4 ऑक्टोबराक लोकनाच (पंगड), लोकनाच (सोलो), फोटोग्राफी, कथा लेखन, पोस्टर, वक्तृत्व सर्त जातली. 5 ऑक्टोबराक लोकगीत, लोकगीत (सोलो), फोटोग्राफी प्रदर्शन, पोस्टर प्रदर्शन, हस्तकला, लुगट आनी कृशी उत्पादन सादरीकरण, विशय आदारीत सामाजीक उद्देजकताय स्टॉल्स (पंगड/वैयक्तिक), सरकारी स्टॉल्स सर्त जातली आनी 6 ऑक्टोबराक हस्तकला, लुगट आनी कृशी उत्पादन सादरीकरण, विशय आदारीत सामाजीक उद्देजकताय स्टॉल्स (पंगड/वैयक्तिक), सरकारी स्टॉल्स सर्त जातली.

चड म्हायती खातीर एपीईओ श्रीमती सिंथीया सिक्वेरा हांचेकडेन 9823393657 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/736

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.